राजश्री कामत     प्रादेशिक खबरो     16.06.2025 @ 7.25 am

शाह 130

गृहमंत्री अमित शहा हाणी नवी दिल्लीत केंद्रीय गृहसचिव आणि हेर वरिष्ठ अधिकाऱ्या वांगडा आगामी जनगणनेच्या तयारीचो आढावो घेतलो. ताणी सोशल मीडिया पोस्टत म्हणला की, जनगणनेची राजपत्रित अधिसूचना आज जारी करतले. जनगणनेत पयलेच फावट जात गणनेचो आसपाव आसतलो. गृहमंत्र्यांन सांगले की, ३४ लाख प्रगणक आणि पर्यवेक्षक आणि सुमार १.३ लाख जनगणना कर्मचारी अत्याधुनिक मोबाइल डिजिटल गॅझेट्स वापरून हे काम करतले. जनगणना दोन टप्प्यात करतले . पयल्या पावंड्यार म्हणजेच घरांची यादी तयार करपाचे काम, प्रत्येक घराची रावपाची परिस्थिती, मालमत्ता आणि सुविधा एकठाय करतले. दुसऱ्या पावंड्यार, लोकसंख्या गणना, प्रत्येक घरातल्या प्रत्येक व्यक्तीची लोकसंख्या शास्त्रीय, सामाजिक-आर्थिक, सांस्कृतिक आणि हेर तपशील एकठाय करतले. त्या उपरांत जनगणना मोबाइल एप्लिकेशन्स वापरून डिजिटल माध्यमातल्यान करतले . लोकांना स्व-गणनेची तरतूद लेगीत उपलब्ध करून दितले. संकलन, प्रसारण आणि साठवणुकीच्या वेळार डेटा सुरक्षितता सुनिश्चित करपाक अत्यंत कडक डेटा सुरक्षा उपाय आंखतले.

रश्मि 90

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोदासावंत हांणी confideration of real estate developers association of india म्हणल्यारूच क्रेडाय ह्या बांधकाम क्षेत्रातल्या जाळवणदारा वांगडा पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली.ह्या बसकेत बांधकाम केल्या उपरांत उरील्ल्या सुवातीनी झाडा लावन कुशीकचो वाठार सैमीक सोबीतकायेन दवरप, तशेंच National Securities Depository Limited जोडपालवान बांधकाम क्षेत्रातल्या मनशांक योग्य प्रशिक्षण दीवन certified करप,बांधकाम कामगारांखातीर आशील्ल्या नीधीचो उपेग तांची भलायकी,रावपाक घर तशेच हेर

समाजीक उपेगाखातीर वापरप, हे वीशी ह्या बसकेत चर्चा जाली. हे शीवाय "सबका घर" ह्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या येवजणेवरवी सर्वसामान्यांक परवडपी दरात घरा बांदुन ही घरा गरजू सर्वसामान्यांक उपलब्ध करून दीवपाविशीय ह्यावेळार चर्चा जाली.

सिंदूर 60

ऑपरेशन सिंदूर वेळार नागरिकांनी दिल्या अढळ तेंक्याबद्दल, तांचे केल्या कौतुकाबद्दल आणि कृतज्ञतेबद्दल भारतीय सैन्यान नागरीकांचे आभार मानल्यात. सोशल मीडिया पोस्टत, भारतीय सैन्यान सांगले की तांका नागरिकांकडच्यान मेळील्या पत्रांचो एक हृदयस्पर्शी संग्रह मेळला. ताणी अशे म्हणला की तांचे शब्द अभिमान, लवचिकता आणि लष्कराक प्रेरणा दिवपी शौर्याच्या चिरस्थायी भावनेचे प्रतिध्वनी आसात. भारतीय सैन्यान आश्वासन दिले की ते सदाच सन्मान आणि समर्पणान राष्ट्राच्या सेवेत आसात.

सुभाष 80

**आदिवासी कल्याण संचालनालयान 'भगवान बिर्सा मुंडा लक्ष्य सिद्धी येवजणे ' खातीर पात्र विद्यार्थ्यांकडच्यान अर्ज मागयल्यात. ह्या येवजणेखाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक नीट वा जेईई परीक्षेच्या तयारेच्या शिकवणेखातीर ११ वी १२वी विज्ञान यत्तेत शिकता आसताना ३ लाख रुपयांची अर्थीक मजत फावो जाता. ज्या विद्यार्थ्यांच्या पालकांचे वर्सुकी उत्पन्न ८ लाखांपरस उणे आसा तांका ह्या येवजणेचो १०० टक्के लाव मेळटलो जाल्यार ८ लाखांपरस चड उत्पन्न आशिल्यांक ७५ टक्के अर्थिक मजत मेळटली भगवान बिर्सा मुंडा लक्ष्य सिद्धी येवजणेचे पुराय भरील्ले अर्ज १५ जुलै २०२५ मेरेन आदिवासी कल्याण संचालनालयात पावपाक जाय**

रान हक्क 65

रान हक्क कायदयाप्रमाणचे अर्जदारांचे दावे निकालात काडपाखातीर गोंयच्या 6 म्हालांनी खासा शिबीरा जांली. हांतुन केपे, सांगे, काणकोण, फोंणे, दारबांदोडा, तशेंच सत्तरी म्हालाचो आसपाव आसा. रान हक्क कायद्याप्रमाण सुमार 8 हजार दावे निकालात प्रलंबित आसा. जाल्यार सरकारान 19 डिसेंबर 2025 मेरेन हे सगळे दावे निकालात काडपाचे थारायल्या. हे फांटभुयेंर राज्य सरकारान अशे चड अर्जदार आशिल्लया म्हालांनी आयोजित केल्यात.गोंयांत सुमार साडे धा हजार अशे अर्जदार आशिल्ले.हातुल्ले कांय दावे सराकरान निकालात काडल्या.

**फुटबोल 60**

बाणावलेच्या युनायटेड क्लबावतीन आज सावन सुपर सोकर आंतरगांव फुटबोल सर्तीक सुरवात जातली.ही सर्त आज सावन बाणावलेच्या सेंट जोन दी बाप्तिस्त मैदानाचेर सुरू जातली.हे सर्तींत पेरीश युथ नुवें,सेंट एंथनी स्पोर्टस क्लब,कारमोणा स्पोर्टस् क्लब ,सी एक सी कासावली,वार्का स्पोर्टस् क्लब,नावेली विलेजर्स युनीयन,यु बी डी कोलवा, कुंकळ्ळी युनियन, यु एस सी सुरावली,स्पोर्टिंग क्लब दवर्ली,डोन बोस्को ओरेटरी,फातोड्डें, आनी यजमान युनायटेड क्लब बाणावली ह्या क्लबांच्या पंगडांचो आसपाव आसा.

**हवामान 75**

गोंयांत कालसावन उटंगाराच्या पावसान हाजेरी लायल्या.काल सकाळीं सावन आयज सकाळी सुद्धा दडकांनी पावस पडला.पावसाक लागून कांय कडेन पडझड जावन लुकसाणेच्या घडणूकांची नोंद जाल्या.हवामान खात्यान गोंयांत आजुय उटंगाराच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण ह्या दोन दिसांखातीर

ओरेंज एलर्ट जारी केला.गोंयांत १७ तें २०जून मेरेन मध्यम प्रमाणात पावसाची शक्यताय आसा.ह्या चार दिसांखातीर एलो एलर्ट घोशीत केला.फुडले स दीस गोंयांत चडांत चड तापमान २८ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेलसीयस आसपाची शक्यताय आसा.गोंयांत१ ते१४ जूनमेरेन सरासरी ११.५०इंच पावसाची नोंद जाल्या.